**नयी पहल उपक्रमाच्या दुसऱ्या टप्प्याच्या पुस्तकांचे फाल्या प्रकाशन**

ता. 20 ऑक्टोबर 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांच्या मार्गदर्शना खाला राजभवना वतीन समाजातल्या विवीध घटकांच्या फायद्या खातीर अनेक येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. अशीच एक येवजण म्हव्यार “नयी पहल” ज्या यवजणे खाला नवीन लेखकांक तांचे साहित्य प्रकाशित करपा खातीर मजत करतात.

ह्या येवजणेखाला राजभवन स्वताच्या निधीतल्यान लेखकांची पुस्तकां शापून प्रकाशीत करता. थळाव्या कोकणी आनी मराठी तशेंच हेर प्रादेशिक आनी राष्ट्रीय भाशांचो तातूंत आस्पाव आसा. पुस्तक शापल्या उपरांत लेखकाक 300 प्रती दितात आनी 200 प्रतीचे वाटप करपात येता. अशां पुस्तकांची राजभवन विक्री करीना.

फाटल्या मे म्हयन्यात ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत आनी नामनेचे लेखक श्री दामोदर मावजो हांच्या हस्तुकीं आनी राज्यपालांच्या उपस्थितीत कोकणी आनी मराठीत 5 पुस्तकाचे प्रकाशन करून ह्या येवजणेची सुरवात केली.

'नयी पहल'च्या दुसऱ्या टप्प्याच्या 7 पुस्तकांचे प्रकाशन फाल्या 21 ऑक्टोबर 2023 दिसा सांजेच्या 4.00 वरांचेर पोरणे दरबार हॉल, राजभवन हांगा जातले. एक कोकणी, पाच मराठी आनी एक मल्याळम पुस्तकांचो तातूंत आस्पाव आसा.

श्रीपाद अजित प्रभू देसाय हांचे मंथन बालसाहित्य (कोकणी), डॉ. अपूर्वा बेतकीकर हांचे मुग्धा अनती (मराठी) धनश्री संदेश प्रभू खानोलकर हांचे तिच्या नजरेतल आभाळ श्रीमती कविता प्रणित आमोणकर हांचे कवितेची कविता , मष्णू कृष्णा पाटील हांचे जीवनसार, डॉ. अजित मराठे हांचे सुरम्य आनी के. मोहनदास हांच्या मकाले ह्या मल्याळम पुरस्तकाचे प्रकाशन जातले.

पुस्तक प्रकाशन कार्यक्रमाक पारवडेश्वर मठाचे प.पू.श्री.श्री.भाऊ महाराज, चित्रपट क्रिएटिव्ह डायरेक्टर/ अभिनेता श्रीराजेश,आर.पेडणेकर, कलाकार महेंद्र अल्वारिस आनी साहित्य अकादमी पुरस्कार जैतिवंत श्रद्धा गरड उपस्थित आसतल्यो. राज्यपालांच्या अध्यक्षतेखाला कार्यक्रम जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/828

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.